# अग्निवीर भरती खातीर नोंदणी सुरू

25 फेब्रुवारी 2026

भारतीय सैन्य दळात अग्निवीर जनरल ड्युटी, अग्निवीर तांत्रिकी, अग्निवीर क्लर्क/स्टोअर किपर टेक्निकल, अग्निवीर ट्रेडसमन 8 वी आनी अग्निवीर ट्रेडसमन 10 वी पदांच्या भरती खातीर 13 फेब्रुवारी 2026 सावन नोंदणी सुरू जाल्या आनी ही नोंदणी 1 एप्रिल 2026 मेरेन चालू आसतली. नोंदणी भारतीय सैन्य दळाच्या www.joinindianarmy.nic.in ह्या वेबसायटी वरवीं चालू आसा. ही नोंदणी महाराष्ट्र राज्यातल्या सातारा, सांगली, सिंधुदूर्ग, कोल्हापूर आनी रत्नागिरी ह्या पाच जिल्ह्यांतल्या उमेदवारां खातीर आनी गोंय राज्याच्या उत्तर आनी दक्षीण गोंयांतल्या उमेदवारां खातीर लागू आसा.

उमेदवारांनी नोंदणी आनी अदीक म्हायती खातीर भारतीय सैन्य दळाच्या www.joinindianarmy.nic.in ह्या वेबसायटीचेर भेट दिवची. तशेंच चड म्हायती खातीर सैन्य भरती कार्यालय, कोल्हापूर- 0231-2606419 ह्या लॅण्डलायन नंबराचेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/142

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.